# <u>मतदार नोंदणी जागृताय रॅली पणजेंत जाली</u>

पणजीः ता. ३० ऑक्टोबर २०१८

कार्तिक ८, १९४०

अतिरिक्त जिल्लोधिकारी श्री. गोपाळ पार्सेकार हांणी पणजेच्या नगरपालिका गार्डना कडल्यान मतदान नोंदणी जागृताय रॅलीची बावटो दाखोवन सुरवात केली. ह्या रॅलीत बूथ स्तरिय अधिकाऱ्याचो समावेश आसलो आनी पणजेच्या चर्च स्वेअर, 18 जून मार्ग, एम. जी. मार्गार वयल्यान आजाद मैदानाचेर सोपयल्ली. मतदाना विशी जागृताय निर्माण करपा खातीर ही रॅली स्वीपा कार्यक्रमाचो भाग जावन आसा.

ह्या रॅलीत श्रीमती सोनिया सिरसाट, श्री. तपन आचार्य, श्री. जॉन आगियार, समिक्षा देसाय, आंतोनेत डिसौझा, श्री. ब्रम्हानंद शंखवाळकार, श्री. माधव बोरकार, श्री. मुकेश घाटवळ हे आयकॉन आनी हेर ह्या रॅलीतसहभागी जाल्ले.

उप-जिल्लोधिकारी श्री. तुषार हळर्णकर, दंडाधिकारी निदेशालयातल्यो मामलतदार श्रीमती सपना बांदोडकर, उत्तर गोंयचे स्वीप प्रमुख अधिकारी डॉ. जर्वासियो मेंडीस, गोवा कॅनचे रोलन्ड मार्टीन्स ह्या वेळार हाजीर आसले.

मतदारांचे नांव आनी वळखपत्रां मदीं आशिल्ल्यो चुको आनी नव्या मतदारांनी www.nvsp.in ह्या संकेत स्थळांचेर भेट दिवन मतदार नोंदणी करची असो ह्या रॅलीचो उद्देश जावन आसलो.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१७१५